# लोकोत्सवा खातीर स्वयंसेवकांची नेमणूक करपाक अर्ज मागयल्यात

ता. 9 जानेवारी 2026

कला आनी संस्कृती संचालनालयान पश्चिम विभाग सांस्कृतीक केंद्र, उदयपूर हांच्या जोड पालवान दर्या संगम, कला अकादमी, कांपाल हांगा 20 ते 29 जानेवारी मेरेन लोकोत्सव आयोजीत केला. लोकोत्सव काळांत म्हणजे 19 ते 29 2026 मेरेन (वट्ट 11 दीस) लोकोत्सवाच्या थळार स्वयंसेवक म्हूण सेवा दिवपाक इत्सुक पणजी शार आनी सरभोवतणच्या वाठारांतल्या महाविद्यालयांचे विद्यार्थ्यीं, समाज कार्य करपी थळाव्या बिगर सरकारी सस्थांचे प्रतिनिधी उमेदवार, 20 ते 35 पिराय गटातल्या युवकां कडल्यान कला आनी संस्कृती संचालनालयान अर्ज मागयल्यात. सेवा काळाखातीर सगळ्या स्वयंसेवकांक विद्यावेतन दितले. स्वयंसेवकांक सांजेची 3.00 ते रातची 10.30 वरा मेरेन सेवा दिवची पडटली.

अर्ज कोऱ्या कागदाचेर आधार कार्डाच्या प्रति सयत 14 जानेवारी 2026 मेरेन कला आनी संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन, पाटो-पणजी हांगा सादर करपाक जाय. पयली येवप्याक पयली हे प्रमाण अर्जांचो विचार जातलो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/38

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.